आकाशवाणी पणजी

19/11/2025

राष्ट्रीय खबरो

6.30 PM

डिजिटल इंडिया ह्या परिवर्तनकारी उपक्रमावरवी नागरिकांक तंत्रगिन्यानच्या आदरान जायत्यो संद मेळपाचीं दारां उक्तीं जाल्यांत अशें राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांणी म्हणला. नवी दिल्लींतल्या नॅशनल इन्स्टिट्यूट ऑफ टेक्नॉलॉजीच्या पांचव्या वर्सुकी दीक्षांत सुवाळ्यात ताणी उलोवप केंलें.
आदर्श डिजिटल गांव तयार करपाक एनआयटी सारकिल्ल्यो संस्थाची मुखेल भुमिका आसतली तशेच विद्यार्थ्यांनी नव्या दिकेंन विचार करचो आनी अस्तित्वांत नाशिल्ल्या तंत्रगिन्यानाचो सोद घेवपाचो यत्न करचो अशें ताणी सांगले.

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी तमिळनाडूतल्या कोयंबटूरांत दक्षिण भारत सैमीक शेती शिखर सभेचें उक्तावण केले.

ह्यावेळार प्रधानमंत्र्यानी 9 कोटी शेतकारांक 18 हजार कोटी रुपया मोलाचो पीएम-किसान येवजणेचो 21वो हप्तो जारी केलो .

ताचे पयली ताणी आंध्र प्रदेशांतल्या पुट्टपार्थींत श्री सत्य साई बाबाच्या जल्म शती सुवाळ्यात वाटो घेतलो .सत्य साईबाबाचें जिवीत वसुधैव कुतुंबकमाची एक बरी देख आसा अशे प्रधानमंत्रीनी सांगले. सत्य साईबाबाचें शती वर्स संवसारीक शांतताय आनी मोगाचो महापर्व आसा अशें ताणी मुखार सांगले. ह्यावेळार ताणी एक खाशेलें टपाल शिक्को आनी नाणें जारी केले .श्री सत्य साई ट्रस्टान भलायकी सेवा, शिक्षण, ग्रामीण उदरगत, पिवपाच्या उदकाची पुरवण, घरां, पोशण आनी नितळ उर्जा ह्या मळार केल्ल्या वावराची तांणी तोखणाय केली.

विदेश मंत्री डॉ. एस जयशंकर हाणी मॉस्कोत रशियाचे पहिले उपप्रधानमंत्री डेनिस मंटुरोव्ह हांची भेट घेतली. अंदूं ऑगस्टांत जाल्ले निमाणे बसके उपरांत द्विपक्षीय संबंदांत जाल्ली प्रगती आनी फुडल्या म्हयन्यांत नवी दिल्लींत जावपी वर्सुकी भारत-रशिया शिखर परिषदेच्या तयारेचो नियाळ घेतलो अशें सोशल मीडिया पोस्टवरवी तांणी सांगलें.

भारताच्या 56व्या आंतरराष्ट्रीय चित्रपट महोत्सव इफ्फीची सुरवात फाल्यां भारताच्या चित्रपटसृष्टीचे दायज दाखोवपी सांस्कृतिक परेडीन जातली. 20 ते 28 मेरेन गोंयांतल्या पणजी शारांत 80 वयर देशांतले मानेस्त आनी चित्रपट निर्माते एकठांय येतले आनी भारतांतले आनी विदेशांतले मेळून 270 वयर चित्रपट प्रदर्शित जातले. अंदूं जपानाक Country of Focusचो मान मेळा. अंदूंचो इफ्फी महोत्सव एक अविस्मरणीय अणभव दिव्पी आसा जातूंत वेगवेगळे चित्रपट, मास्टरक्लास आनी सांस्कृतीक कार्यावळी आसल्यो.

विदेश मंत्रालयाचे प्रवक्ते रणधीर जायसवाल हांणी आयज अफगाणिस्तानाचो वाणिज्य आनी उद्देग मंत्री आल्हाज नूरुद्दीन अझीझियन हांका येवकार दिलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत श्री जयसवाल हांणी सांगलें, भारत आनी अफगाणिस्तानामंदी वेपार आनी गुंतवणूक संबंद मुखार व्हरपाचेर ही भेट केंद्रीत आसा.

बिहारांत संयुक्त जनता दलान नीतीश कुमार हाका विधीमंडळ पक्षाचो फुडारी म्हूण वेंचून काडला. तशेंच नॅशनल डेमोक्रेटिक आलायन्साचे नवे वेंचून आयिल्ले आमदार आयज विधीमंडळ पक्षाचो फुडारी वेंचून काडटले.हातूंतय नीतीश कुमाराचें नांव मुखार आसा.ते आयज सरकार स्थापणुकेचो दावो करतले.

सुदारीत पासपोर्ट सेवा कार्यावळ 2.0 खाला 2035 मेरेन ई-पासपोर्टांत पुरायपणान संक्रमण करपाचेर सरकार काम करीत आसा. हाचे खाला नव्यान जारी केल्लीं सगळीं पासपोर्टां रोखडींच ई-पासपोर्ट जातली, जाल्यार सद्याचे बिगर इलॅक्ट्रॉनीक पासपोर्ट कालबाह्य जाय मेरेन वैध उरतले

भारतीय हवामान खात्यान आयज अंदमान आनी निकोबार जुंवे, लक्षद्वीप,तमिळनाडू,पुडुचेरी आनी कराईकलात चड पावस पडपाचो अदमास उक्तायला.तशेच आयज मध्य महाराष्ट्र आनी मध्य प्रदेशांतल्या एकसुरे सुवातेर शियांच्या ल्हारांचो अदमास उक्तायला.मजगतीं, दिल्ली-एनसीआर वाठारांतल्या हवेचो दर्जो सामकोच वायट श्रेणीत आसा.

बॉक्सिंगांत अरुंधती चौधरी हिणे संवसारीक मुष्टियुध्द सर्तीत  जर्मनीची लियोनी मुलराक हरावोन भेसबरी कामगिरी केली. जाल्यार मीनाक्षी, अंकुश फंगल, परवीन आनी नुपूर हाणी ह्या सर्तीतच्या फायनलींत सुवात मेळयली.